गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 08 वर्स 2024**

**23.08.2024 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**सगळया पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 06-09-2024 आसा.**

**ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचे संकेतथळ https://gpsc.goa. gov.in वा गोंय सरकाराचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in/चेर पळोवचें.**

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार,**"सुचोवण्यांनी"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

टीपः-1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

ए) **ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) **ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधता ई चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दिस मेरेन आसतली)
- ह्या ई चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई-चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल पत्तो आनी मोबायल क्रमांक चुकनासतना दिवपाक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्याचेर/ मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटले. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल खातें/मोबायल फोन/ आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार त्यो प्रामाणीत मानतले.**

## <u>I.भलायकी सेवा संचालनालय</u>

A. भलायकी सेवा संचालनालय

1. कनिश्ठ शल्यचिकित्सक (Junior surgeon) .... 1पद (हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) 2 रे फावटी

**वेतन श्रेणी:** 15,600 - 39,100 + 5,400 (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय** - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक** –(i) भारतीय वैजकी कायदो, 1956( 1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II ( सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय (ii) पदव्युत्तर पदवी नासल्यार, त्या क्षेत्रांतली विशेश पदविका. (iii) पदविका धारकाक, पदव्युत्तर पदविका मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 2 वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– मराठीचें गिन्यान

B. <u>गोंय वैजकीय महाविद्यालय</u>

<u>आपात्कालीन वखदांत सहाय्यक प्राध्यापक</u> (Assistant Professor in Emergency Medicine) 15 पदां (2- अनुसुचीत जमाती खातीर, 4-हेर मागास वर्गियां खातीर, 1-अर्थीक दृश्ट्या दुबळ्या समाजा खातीर, 8- अन आरक्षीत) (4 थे फावटी)

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6,600/-(पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

**पिराय**- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय

आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट- कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) राष्ट्रीय वैजकीय आयोग (आदलें भारतीय वैजकीय मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकीय महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवी मेळयल्या उपरांत खासा-विशेशतायेच्या विशयांत व्याख्यातो म्हूण उण्यांत उणो तीन वर्सांचो अणभव वा वैजकीय महाविद्यालय/शिक्षणीक संस्थेंत समतुल्य शिक्षणीक पद आसूंक जाय.

(iv)कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :–मराठीचें गिन्यान.

## II. श्रम खातें

**इएँसआय येवजणेंत विमो वैजकी अधिकारी (Insurance Medical Officer in ESI Scheme) .... 1पद [(दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत) (सेरेब्रल पाल्सी, कुश्टरोगांतल्यान बरो जाल्लो, गिड्डो, एँसीड हल्ल्याचो बळी आनी मस्कूलर डिस्ट्रॉफी सयत लोकोमोटर अपंगत्व)] (6 वे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600 – 39,100 + 5,400 (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

**पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यकः** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय वा गोवा मॅडीकल स्कूलाची पदवी (मॅडीको-चिरुरजिओ) आसूंक जाय.(ii) अनिवार्य रोटेटींग इंटर्नशीप पुराय करप. (iii) वैजकी सेवा प्रशासनांतलो उण्यांत उणो 3 वर्सांचो अणभव (अणभव गोंय लोक सेवा आयोगाच्या विवेकबुध्दी प्रमाणें शिथील आसा) (iv)कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:–** (i) सामान्य वैजकी वेवसायांत अणभव आसूंक जाय. (ii) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

## III. उच्च शिक्षण संचालनालय

**सरकारी महाविद्यालय**

**वनस्पतशास्त्रांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant professor in Botany) ....... 1 पद (दिव्यांगा खातीर आरक्षीत (हालचाल ना करप्या सयत मेंदवाचो अर्धांगवायू (सॅरॅब्रल पाल्सी, कुश्टरोग पिडीत (लॅप्रोसी क्यूअर्ड), गिड्डो (ड्वार्फीजम), एसीड हल्लो पिडीत आनी पेशीय दुर्विकास (मस्कुलर डिस्ट्रॉफी)) ( 7 वे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6,000/-(पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक : (I) भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयांत पदव्युत्तर पदवी पांवड्यार उण्यांत उणे 55% गूण वा तत्सम श्रेणी घेवन बरी शिक्षणीक नोंद वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापक म्हूण नेमणुके खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (एनईटी)/राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (एसईटी) ह्या परिक्षांची आवश्यकता सक्तीची आसतली पूण ज्या उमेदवारांक पीएच.डी दिल्या वा मेळ्ळया जी “विद्यापीठ अनुदान आयोग (पीएच.डी पदवी खातीर किमान मानक आनी पध्दत), नियमन 2009 चें पालन करून दिल्या, तांकां महाविद्यालयांत प्राध्यापक वा त्या पांवड्या वयल्या पदा खातीर भरती वा नेमणूक करतना एनईटी/एसईटी चे किमान पात्रताये पासून सूट मेळटली” (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक - (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा एम. फील. (ii) मराठीचें गिन्यान.

*पदवीधर आनी मास्टर स्तराचेर एससी/एसटी/ओबीसी/पीडब्ल्यूडी वर्गां खातीर पात्रतायेच्या उद्देशान आनी शिक्षणीक पदांचेर थेट भरती करतना बऱ्या शिक्षणीक नोंदीचें मूल्यांकन करपा खातीर 5 टक्के सूट दिवंक शकता.